# सुरक्षेविशीं जाग्रुताय करपाक गृहरक्षक म्हत्वाचे योगदान दिवपाक शकता-डीजीपी

ता. 6 डिसेंबर 2018
15 मार्गशीर्ष 1940

गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण दळ न्हय फकत रस्त्यावयल्या सुरक्षेविशीं जाल्यार हेर सगळयां तरेच्या सुरक्षेविशीं सबंद समाजात मोठया प्रमाणात जाग्रुती करपाखातीर म्हत्वाचे योगदान दिवपाक शकता,अशें पुलीस महासंचालक डॉ. मुक्तेश चंदर हांणी आयज पणजे पुलीस मुख्यालयात आयोजित गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण दळाच्या वर्सूकी स्थापणूक दीस कार्यक्रमात मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना सांगलें.

डॉ. चंदर हांणी उत्कृश्ट सेवेखातीर गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण दळाचे अभिनंदन करून गृहरक्षक दळ हे स्वयंसेवी संघटन आनी ताचे योगदान गोंयात सगळेकडेन आनी खास करून येरादारीच्या वेवस्थेत दिसून येता. आयच्या आधुनिक जगात आव्हानांनी भर पडत आसा आनी आपत्ती सारख्या आव्हांना वेळार परिस्थिती योग्य तरेन हाताळपाखातीर गृहरक्षकांक आवश्यक प्रशिक्षण दिवपाची गरज आसा, अशें सांगले.

डॉ. चंदर हांणी फुडें उलयताना सांगलें, जातीय सलोखो राखपाखातीर नागरी संरक्षक म्हत्वाची भुमिका निभावतात. गृहरक्षकांनी ट्राफिक सेन्टिनल येवजणेत सहभागी जावन येरादारीचे नेम पाळपाच्या कार्याक योगदान दिवचें, अशेंय तांणी सांगले.

गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षक दळाचे डेप्युटी कमांडंट जनरल श्री. दिनराज गोवेकर हांणी गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण दळाचो इतिहास आनी सेवेची माहिती करून दितना गृहरक्षक आनी नागरी सुरक्षा दळ कायदो आनी सुवेवस्था राखपाक, येरादारीची वेवस्था, अतिमहनीय व्यक्तीची सुरक्षा आनी हेर प्रसंगाच्या वेळार पुलीस यंत्रणेक मोलादीक योगदान दितात, अशें सांगले. श्री. गोवेकर हांणी राष्ट्रपती पदक फावो जाल्ले गृहरक्षक श्रीमती राधिका राजन हळर्णकर आनी नागरी संरक्षक श्री. उदय नागप्पा कुरी हांचेय अभिनंदन केले.

हया वेळार पुलीस महानिरीक्षक श्री. जसपाल सिंग, उपमहानिरीक्षक श्री. परमादित्य, पुलीस अधिक्षक शेखर प्रभूदेसाय आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

गृहरक्षक दळाचे डिस्ट्रिक्ट कमांडंट श्री.लॉरेन्स डिसौझा हांणी येवकाराचे उलवप केले. गृहरक्षक दळाचे कंपनी कमांडर श्री. जॉन आगियार हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले तर डॉ. परेश लवंदे हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1786